**Panaji Regional 15th February 7.25am**

मंत्री सुभाश फळदेसाय

गोंय हे दीव्यांग व्यक्तींक सक्षम करपी देशातले पयले **model** राज्य करपाच्या दीखेन सरकार काम करता अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या.राज्यातल्यो भौशीक सुवाती तशेच सरकारी इमारती दीव्यांग व्यक्तींक लागपी साधन सुविधा सयत सुसज्ज करपाचे काम सुरू जाला.हे काम **CSR** माध्यमातल्यान करता अशी म्हायती मंत्र्यान दीली.तंत्रगीन्यानाचो उपेग दीव्यांग मनशांक रोजगार मेळवपाच्या नदरेतल्यान करून तांका सक्षम करपाची मोख गोंय सरकारान दवरला अशे मंत्री फळदेसाय हांणी सांगले.गोय सरकाराच्या दीव्यांग व्यक्तीचे आयोगावतीन आयज समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसायाच्या हस्तुकी **10** दीव्यांग मनशांक **e-rikshaw** दीवपाची कार्यावळ काल जाली.गोवा मायल्स कंपनीकडे कबलात करून ह्या **e -rikshaw** मेळील्या लाबार्थ्यांक रोजगार मेळपाच्या हेतान कबलात करून सरकारान दीव्यांग मनशांक सक्षम करपाच्या हेतान हो उपक्रम चालीक लायला.ह्यावेळार गोंय राज्य दीव्यांग व्यक्तीचे आयोगाचे अध्यक्ष गुरूप्रसाद पावसकर,संचालक वर्शा नायक,गोवा मायल्स कंपनीचे वांगडी उत्कर्श दाबाळे तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले

**2.**असोळणा

मडगाव: वेळ्ळी मतदारसंघाच्या असोळणा ह्या पंचायतीचे २ कोटी ४० लाख रुपये खर्चुन रोखडेच नवे पंचायत घर उबे जातले.वेळ्ळीचे आमदार क्रूझ सिल्वा हांणी ही म्हायती दिली. काल सिल्वा हांचे हस्तुकी ह्या प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर बसयिलो. एका वर्साच्या भितर हे पंचायत घर बांदून पुराय जातले अशे तांणी सांगलें.

सुमार एक हजार चौखण मीटर सुवातेत हो प्रकल्प येता. तीन मजली ही इमारत आसून तळमजल्यावर दुकानां, पयल्या मजल्यार पंचायतीचे कार्यालय जाल्यार दुसऱ्या मजल्यार गावाखातीर सभाघर अशे बांदकामाचे स्वरुप आसून दीनदयाळ पंचायती राज साधन सुविधा उदरगत २०१३ हे येवजणेखाला हे बांदकाम हातात घेतला अशी म्हायती तांणी दिली.

म्हापशेंची नगराध्यक्ष

म्हापशें, प्रतिनिधी ः म्हापशेंची नगराध्यक्ष डॉ. नूतन बिचोलकार हांणी सत्ताधारी गटांतले कबलाती प्रमाण पदाचो राजिनामो दिलो. आतां प्रिया मिशाळ हांकां नगराध्यक्षपद घेवपाची शक्यताय आसा.

काल सकाळीं उपसभापती जोशुआ डिसोझा हांची तांचे घरां भेट घेतले उपरांत तांच्या सल्ल्या प्रमाण डॉ. नूतन बिचोलकार हांणी नगरपालिका संचालनालया कडेन आपलो नगराध्यक्षपदाचो राजिनामो सादर केलो.**23** फेब्रुवारी **2024** दिसा डॉ. बिचोलकार नगराध्यक्ष पदाचेर विरोधा विणें वेंचून आयिल्ली. सत्ताधारी गटांत नगराध्यक्ष आनी उपनगराध्यक्ष हांचीं पदां विभागून घेवपाची अलिखीत कबलात जाल्ली. ते प्रमाण बिचोलकार हांची एक वर्सा खातीर ह्या पदाचेर निवड जाल्ली.

भूमिपूत्र सेवा संघटणा

भूमिपूत्र सेवा संघटणा आनी कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या जोड पालवान आयतारा १६ तारखेक युवा आदिरंगोत्सव कार्यावळीचे आयोजन केलां. फोंड्या राजीव गांधी कला मंदिरात हो दिसभराचो सांस्कृतिक कार्यक्रम जातलो अशी म्हायती भूमिपूत्र सेवा संघटणा संस्थेचे अध्यक्ष डॉ. वेंकू गावडे हांणी दिली. सकाळी धां वरांचेर जावपी उक्तावण सुवाळ्याक विधानसभा सभापती रमेश तवडकर मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावतले. सांजे ५ वरांचेर जावपी समारोप सुवाळ्याक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत , कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हाजीर रावतले अशी म्हायती जाळवणदारानी दिली. ह्या युवा आदीरंगोत्सवांत वेगवेगळ्यो सर्ती आनी आकर्शक इनामां आसात अशें आयोजकांनी कळीत केलां.

डॅनियली मॅकलॉग्लीन खून प्रकरणात विकट भगत दोशी

मडगाव: ब्रिटीश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन खून प्रकरणात काल या प्रक़रणातलो दुबावीत विकट भगत हाका दोशी थारायलो. दक्षिण गोंयच्यो अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश क्षमा जोशी हांणी आयज भगत हाका खून करप, बलात्कार करप आनी

पुरावे नश्ट करपाच्या आरोपाखाला दोशी थारायलो. सोमारा ह्या दुबाविताक ख्यास्त फर्मायतले.

१७ मार्च २०१७ ह्या दिसा राजबाग-काणकाेण हांगा ह्या ब्रिटीश पर्यटक युवतीचो खून जाल्लो. तिचो गळो दाबून खून केल्ल्याचे पोस्टमार्टम तपासणेत सिद्ध जाल्ले. ह्या प्रकरणात उपरांत काणकोण पुलिसांनी विकट भगत हाका अटक केल्ली. आयज निमाणो युक्तीवाद करताना सरकारी वकील देवानंद कोरगावकर हांणी हे खून प्रकरण हे मनीसजातीक काळे लावपी आशिल्ल्यान विकट भगत हाका फाशीची ख्यास्त दिवची अशी मागणी केली. जाल्यार दुबाविताचो वकील अॅड. अरुण ब्राझ डिसा हांणी आपल्या अशिलाआड कसलेच ठोस पुरावे नात हे मतीत धरून ताका कमीत कमी ख्यास्त दिवची अशी मागणी केली.